आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा

21.01.2025 @ 6.30 pm

भारत मंडप 150

स्वित्झर्लंडांतल्या दावोस शारांत जाल्ले संवसारीक अर्थीक मंचाचे वर्सुकी बसकेंत अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्री चिराग पासवान आनी कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता राज्यमंत्री जयंत चौधरी हांणी भारत मंडपाचें उक्तावण केलें. भारताच्या प्रगतीचो पुराय संवसाराक फायदो जातली आनी संवसारीक पांवड्यार बरो सहकार मेळटलो अशी अपेक्षा आसा.नरेंद्र मोदी सरकार भारताक संवसारीक अन्न सांठो करपाक सोदता अशें पासवान हांणी प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना सांगलें. उपरांत पासवान हाणी  कोका कोलाचे सीओओ हेन्रिक ब्रॉन हांचे कडे अन्न प्रक्रिया क्षेत्र मजबूत करपाक आनी  शाश्वत पद्धतींक प्रोत्साहन दिवपाक बसका घेतली. ह्या सहकार्या वरवीं भारतीय उद्देगाक नव्या उंचायेर व्हरपा खातीर ते वावुरतले अशें तांणी सांगलें. तशेंच महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस आनी तेलंगणाचे मुख्यमंत्री रेवंत रेड्डी हे लेगीत  हेर भारतीय फुडाऱ्यां वांगडा हाजीर आशिल्ले. भारतीय मंडप हो संवसारीक मळार भारता खातीर म्हत्वाचो खीण अशें फडणवीस हांणी . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दूरदर्शी फुडारपणा खाला भारताचो  विकसित भारताकडे जावपी  प्रवास दरशोवपी भारतीय ध्वज उंच फडकत आसा अशे तांणी म्हणला.

ट्रम्प 45

अमेरिकेचे ४७ वे राष्ट्राध्यक्ष म्हणून पदभार स्वीकारल्याबद्दल राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अभिनंदन केले. दोनूय देशांच्या

फायद्या खातीर आनी संवसाराक बरो फुडार घडोवपा खातीर आपूण एकठांय वावुरपाची आस्त बाळगता अशें प्रधानमंत्र्यान आपल्या सोशल मिडिया पोस्टांत बरयलां. राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांकां यशस्वी कार्यकाळा खातीर शुभेच्छा दिल्या

जयशंकर 40

मजगती वॉशिंग्टन डीसी हांगा जावपी अमेरिकेच्या ४७ व्या राष्ट्राध्यक्षांच्या सोपूत विधी समारंभात परराष्ट्र मंत्री एस. जयशंकर भारताचे प्रतिनिधित्व करतात. सोशल मिडिया पोस्टांत मंत्र्यांनी म्हणला कि या कार्यक्रमात परराष्ट्र मंत्री आनी प्रधान मंत्र्यांचे विशेष दूत म्हणून प्रतिनिधित्व करपाचो तांका सन्मान मेळला.

Gadkari 85

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी आज गोयात आयले. आज ते आता थोड्याच वेळात रवींद्र भवन ते एमपीटी गेट – 9 मेरेन बंदर जोडणी खातीर 8 किमी लांबायेचो फ्लायओवर आनी केबल स्टे आर ओ बी राष्ट्राक समर्पित करतले. एमईएस कॉलेज जंक्शन ते व्हीयू पी बोगमालो जंक्शन आनी क्वीनी जंक्शन मेरेन 4 किमी लांबायेच्या फ्लायओव्हराची बुन्याद घालतले. झुआरीच्या टोकापासून मडगाव बायपासच्या सुरुवातीपर्यंत ७ किमी लांबीच्या बायपासचे फॉर लेनिंग नावेलीम ते कुंकोळी मेरेन, बोर्डे ते पोळे, फोंडा  ते भोमा ह्या राष्ट्रीय महामार्ग ६६ वेल्या  सुमार ५५७ कोटी रुपयांच्या प्रकल्पाची बुन्यादय ते घालतले

राज्य स्थापना 140

राष्ट्रपती, उपराष्ट्रपती आनी प्रधानमंत्री हांणी मेघालय, त्रिपुरा आनी मणिपूरांतल्या लोकांक राज्य स्थापना दिसा निमित्त शुभेच्छा दिल्यात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी

आपल्या संदेशांत ह्या राज्यांतल्या उद्देजक लोकांनी देशाचे उदरगतींत उल्लेखनीय योगदान दिलां अशें म्हणला. ह्या राज्यांतल्या रहिवाशांक शांती आनी समृध्द फुडारा खातीर शुभेच्छा दिल्या. तांची विविधताय आशिल्ली संस्कृताय, चैतन्यशील परंपरा, आनी गिरेस्त जैवविविधताय अशीच फुलत उरतली अशी आस्त तांणी उक्तायली.भारतांतले हे तीन तेजस्वी रत्न विविधतायेंत एकचाराची भावना सोबीतपणान मूर्त रूप दितात आनी देशाच्या चैतन्यशील सांस्कृतीक दायजाचें प्रतिबिंब आसा अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हांणी. प्रधानमंत्री नरेंद्र हांणीय शुभेच्छा दिवून आपल्या संदेशांत देशाचे उदरगतींत मणिपूरच्या लोकांची भुमिका पळोवन पुराय देशाक अभिमान आसा अशें म्हणला. मेघालया खातीर सैमीक सोबीतकाय आनी लोकांच्या उद्देगीक स्वरुपा खातीर तोखणायेचें आसा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणला. राज्या ची निरंतर उदरगत चालूच उरची म्हूण तांणी प्रार्थना केली. त्रिपुरा राज्य राश्ट्रीय प्रगतींत उल्लेखनीय योगदान दिता अशें मोदी हांणी उल्लेख केला.

प्रजासत्ताक 150

2025 वर्साच्या प्रजासत्ताक दिसाच्या परेडांत भारताची सांस्कृतीक विविधताय आनी लश्करी पराक्रमाचे दर्शन घडयतले, तातूंत संविधानाच्या अंमलबजावणीच्या ७५ वर्षांच्या आणि जनभागीदारीवर विशेष लक्ष केंद्रित करतले. अंदू इंडोनेशियाचे राष्ट्रपती प्रबोवो सुबियांतो हे परेडांत मुखेल सोयरे आसतले. नवी दिल्लींत मिडियाक संबोधीत करतना संरक्षण सचीव राजेश कुमार सिंग हांणी भारतीय सशस्त्र दळाच्या पंगडां वांगडा कार्तव्य मार्गाचेर जावपी परेडांत इंडोनेशियाचो 160 वांगड्याचो मार्चिंग पंगड आनी 190 वांगड्याचो बँड पंगड वांटो घेतलो अशें जाहीर केलें. तांणी फुडें सांगलें की, वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान, केंद्रशासित प्रदेशांतल्यान आनी केंद्र सरकाराच्या मंत्रालयांतल्यान आनी खात्यांतल्यानय 31 गटूय वांटो घेतले, जे स्वर्णिम भारत: विरासत और विकास ही थीम प्रदर्शित करतले.

राष्ट्र आनी समाज निर्मिती खातीर केल्ल्या योगदानाचो भोवमान करपा खातीर 34 वर्गांतल्या सुमार धा हजार खाशेल्या सोयऱ्यांक आमंत्रित केल्यात. मुखेल सरकारी येवजण्यांनी उत्कृश्ट कामगिरी केल्ल्या गांवांतल्या सरपंचांचे वांगडा ह्या सोयऱ्यांक सरकाराचे खाशेले सोयरे म्हणून वेंचून काडल्यात. स्वर्णिम भारताची भावना मुखार दवरून हे व्यक्ती आपल्या-आपल्या मळार यशस्वी आनी सर्वोत्तम कामगिरी करपी आसात हाचेर मंत्रालयान भर दिला.

आदिवासी 100

केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालय आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपांत प्रधानमंत्री जनमान ह्या विशयाचेर जिल्होधिकाऱ्यांचें राष्ट्रीय परिशद घडोवन हाडटलें. हे परिशदेक आदिवासी वेव्हार मंत्री जुआल ओराम आनी आदिवासी वेव्हार राज्यमंत्री दुर्गादास उइके हाजीर आसतले. हे परिशदेंत ग्रामीण उदरगत (घरां आनी रस्ते), वसतिघरा (शाळा), पिवपाचें उदक, आंगनवाडींचें संचालन, आनी बहुउद्देशीय केंद्रां चालीक लावप अशा स मुखेल वाठारांचेर भर दितले. तशेंच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दृश्टीकोना प्रमाण, मोहिमेचे उद्दिश्ट नेटान साध्य करपा खातीर जाय आशिल्ले फायदे निमाण्या मेरेन पावचे हे खातीर वावुरतले. प्रधानमंत्री जनमान चालीक लावपा खातीर कृती आराखडो तयार करून 18 राज्यांतल्या वट्ट 88 जिल्ह्यांनी चर्चा आनी अंतर्दृष्टी सामायिक म्हायती आदिवासी वेव्हार मंत्रालयान दिल्या.

आनी ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्यो मुखावल्यो राष्ट्रीय खबरो तुमका आयकूंक मेळटल्यो फाल्या सकाळी ८. ४० मिनटांचेर.नमस्कार